# विकास येवजणांचे संशोधन, अभ्यास आनी मुल्यांकन येवजण

ता. 9 ऑक्टोबर 2017
17 आश्विन 1939

केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयावतीन विकास येवजणांचे संशोधन, अभ्यास, देखरेख, मुल्यांकन आनी प्रसिध्दी ह्या नावान केंद्रीय येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

हे येवजणेखाला उपयूक्त ऑपरेशन रिसर्च, मार्केट रिसर्च आनी ॲक्शन रिसर्च करपाखातीर संशोधन संघटना, संस्था, मंडळा, नागरी संस्था, विद्यापीठा, अभिमत विद्यापीठां, उच्च शिक्षण संस्था, स्वायत्त संस्था, मार्केट रिसर्च संस्था आनी नोंदणीकृत वेवसायिक संस्थांक वेवसायिक शुल्क दितात.

अल्पसंख्यांकाखातीर अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणाचेर देखरेख, अंमलबजावणीच्या प्रक्रियेतल्यो समस्या, प्रिंट, इलेक्ट्रॉनिक आनी हेर माध्यमातल्यान जागृती मोहिम, संशोधनातल्यान समस्यांची माहिती एकटाय करप, उणावाची माहिती एकटाय करप, मंत्रालयावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणाचेर देखरेख दवरप, जाग्रुताय मोहिम आनी कार्यक्रम तयार करप, अल्पसंख्याक येवजणाची प्रसिध्दी, कार्यशाळा, परिसंवाद, परिशद आयोजित करप आनी हेर संबंदीत सेवेचो आस्पाव हे येवजणेखाला आसा.

येवजणेविशी चड माहितीखातीर मंत्रालयाच्य www.minorityaffairs.gov.in ह्या संकेत थळाचे पळोवचे वा पालवी संचालक, समाज कल्याण संचालनालय पणजी (फोन नं. 2232257/2223784, ईमेल socialwelfaregoa @rediffmail.com हांगा संपर्क करचो.